भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# बंदी दानीएल



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Jonathan Hay
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Mary-Anne S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.

देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

दानीएल आनी ताचे तीन इश्ट इझ्राएलांत रावताले. एक दीस एक व्हड राजा तांच्या मायभूंयचेर आयलो आनी सगळ्या हुशार तरणाट्यांक आपल्या देशांत व्हेले. राजाक एक व्हड लांब नांव आशिल्लें - नबूकदनेस्सर - आनी तो बॅबिलोन नांवाच्या पयसुल्ल्या देशांत रावतालो.



बाबिलोनांत तरणाट्यांक खूब बरी वागणूक मेळ्ळी. राजान संवसारांतल्या दर एका देशांतले सगळ्यांत हुशार आनी उत्कृश्ट तरणाटे वेंचून काडिल्ले. तांकां बाबिलोन भाशेंतल्यान प्रशिक्षण दिवपाची ताणें येवजण आंखली, जाका लागून ते आपले नोकर जावंक शकतले.



जेवणूय बरें आशिल्लें. राजान जें खाल्लें तें तरणाट्यांनी खाल्लें. पूण दानीएल आनी ताच्या इश्टांक तें जेवण खोट्या देवांक दिल्लें आशिल्ल्यान खावपाची इत्सा नाशिल्ली. दानीएलान आपल्या देवा आड केन्नाच कांयच करचो ना अशें उतर दिल्लें. इज्रायलाच्या देवान आपल्या लोकांक मूर्ती वा खोट्या देवां कडेन कांयच संबंद दवरचो न्हय अशी आदन्या दिल्ली.



दानीएलान आपल्या प्रशिक्षणाच्या प्रभारी मनशाक राजाचें जेवण खावंक नाका अशी परवानगी मागली. राजाक कळळें जाल्यार ताका खूब राग येतालो. पूण देवान दानीएलाक ह्या मनशाक आवडीचो केल्लो.



ताणें दानीएल आनी ताच्या इश्टांक परिक्षेंत घालपाक मान्यताय दिली. धा दीस ते फकत भाजी खाताले आनी फकत उदक पियेताले. धा दिसांच्या शेवटाक दानीएल आनी ताचे इश्ट राजाचें जेवण खावपी हेर सगळ्या तरणाट्यां परस खूब भलायकेन बरे दिसताले. देखून तांकां भाजी आनी उदक घेवन फुडें वचपाक मेळ्ळें.



ह्या तरणाट्यांनी देवाचो मान केलो. आनी देवान तांकां मान दिलो. देवान तांकां शिकून घेतिल्ल्या गजालींनी गिन्यान आनी कुशळटाय दिली आनी दानीएलाक सगळयो दर्शन आनी सपनां समजून घेवपाची बुद्धी आशिल्ली.





बाबिलोनांत तीन वर्सां शाळेंत शिकल्या उपरांत सगळ्या तरणाट्यांक राजा नबूकदनेस्सराच्या मुखार दवरले. ताणें दानीएल आनी ताच्या तीन इश्टांक सगळ्यांत बरे अशें वेंचून काडले. खरें म्हणल्यार दानीएलाक आपल्या राज्यांतल्या सगळ्या ज्ञानी मनशां परस चड बुद्धी आसा हें राजाक कळ्ळें.

एक राती राजाक वायट सपन आयले. ताणें आपले जादूगरांक, ज्योतिशांक येवन आपल्या मुखार उबे रावपाक सांगले. राजान म्हणलें, “हांवें सपन पळयलां आनी सपन समजून घेवपाक म्हजो आत्मो आतुर आसा.” ज्ञानी लोकांनी जाप दिली, “हे राजा, सदांकाळ जिये! तुज्या नोकरांक सपन सांग, ताचो अर्थ आमी सांगतले.”



राजान जाप दिली, “ना! हांवें सपन पळयलें आनी ताचो अर्थ सांगचो पडटलो. ना जाल्यार तुमचे कुडके कुडके जावन तुमची घरां जळटलीं! पूण सपन आनी ताचो अर्थ सांगलो जाल्यार.” राजान फुडें सांगलें, “तुका भेटवस्तू आनी इनामां आनी व्हड मान मेळटलो.” अर्थांत, खंयच्याच ज्ञानी मनशाक राजाक आपलें सपन सांगूंक जाले ना.



राजाच्या ज्ञानी लोकांनी राजाक म्हणलें, “तुमी मागतात तें करपाक पृथ्वीचेर एकूय मनीस ना. फकत देवांकच तें करपाक जाता, आनी ते धर्तरेचेर रावनात.” राजाक खूब राग आयलो. “बाबिलोनाच्या सगळ्या ज्ञानी मनशांचो नाश कर!” ताणें आदन्या केली.



जेन्ना सैनिक दानीएलाक आयले, तेन्ना ताणें राजाचो सरदार अरियोकाक म्हणलें, “राजा सगळया ज्ञानी मनशांचो कित्याक नाश करता?” मागीर आरियोकान दानीएलाक घडिल्लें सगळें सांगलें. दानीएल राजाक पळोवपाक गेलो. राजाक आपल्या सपनाचो अर्थ सांगूंक मेळचो म्हणून ताणें चड वेळ मागलो.



मागीर दानीएल आपल्या घरा गेलो आनी आपल्या इश्टांक शद्राक, मेशाक आनी अबेदनेगोक सगळें सांगलें. सपन कितें वा ताचो अर्थ कितें तें डॅनियलाक खबर नाशिल्लें, पूण सगळें जाणून घेवपी कोणाक तरी खबर आशिल्लो. देवाक. देखून, दानीएल आनी ताचे इश्टांनी मागणें केलें.



देवान दानीएलाक सपन आनी ताचो अर्थ दाखयलो. दानीएलान सर्गाच्या देवाक आशीर्वाद दिलो, “देवाचें नांव सदांकाळ धन्यवाद, कित्याक बुद्धी आनी बळगें ताचीच.” दानीएल बेगीन राजा कडेन गेलो आनी ताका म्हळें: “स्वर्गांत एक देव आसा जो गुपीत उकतें करता.” ताणें राजाक आपूण कितें सपन पळयलां आनी त्या सपनाचो अर्थ कितें तें सांगलें.



राजा नबूकदनेस्सरान सपन आनी ताचो अर्थ आयकून, तो दानीएलाच्या मुखार पडलो आनी म्हणपाक लागलो, “खरेंच तुजो देव देवांचो देव, आनी राजांचो प्रभु आनी गुपीत उकतें करपी, कारण तुका हें गुपीत उकतें करपाक मेळ्ळें!” तेन्ना राजान दानीएलाक व्हड मनीस केलो आनी ताका जायतीं व्हड भेटवस्तू दिलीं. ताणें ताका सगळ्या बाबिलोन प्रांताचेर आनी बाबिलोनांतल्या सगळ्या ज्ञानी मनशांचेर मुखेली केलो.



# बंदी दानीएल

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

दानीएल १-२

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16